# दीनदयाळ स्वास्थ येवजणेखातीर सल्लागार म्हुण डॉ. पै हांची नेमणूक

ता. 14 सप्टेंबर 2017
23 भाद्रपद 1939

दीनदयाळ स्वास्थ सेवा येवजणेच्या अंमलबजावणीचेर देखरेख दवरपाखातीर डॉ. बाळकृष्ण वी. पै हांची सल्लागार म्हुण एका वर्साखातीर कंत्राट पद्दतीचेर नेमणूक केल्या.

डॉ. पै. हांणी गोंयात तशेंच मुंबय जनरल इन्स्युरन्स कंपनीचे सिनियर मॅनेजर म्हुण काम केला. निवृत्त जावची पयली ते मुंबय भलायकी विमो येवजणेखातीर महाराष्ट्र सरकारचे समन्वयक म्हुण काम पळयताले.